प्रादेशिक खबरो 28.06.2025 @ 7.25 am

रश्मि 50

गोय हे आंतरराश्टीय पांवड्यावेले पर्यटन थंळ,ताका लागुन पर्यटन मळार मध्यम ल्हान,,आनी सूक्ष्म मळार वेवसाय करपाक खुप संद आसा. हाका लागुन राज्य आनी केद्र सरकाराच्या येवजणेचो लाव घेंवन तरणाट्यानी ह्या संदेचो लाव घेवचो अशे अवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला. बारीक दीसपी ह्या वेवसायातल्यान जागतीक पांवड्यार पन्नास टक्के gdp मेळटा अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या.

रश्मि 30

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जगन्नाथ रथ यात्रेची धर्मिक वीधी जालो. गोंयात रावपी ओडिशयाच्या नागरीकांनी गोंयची संस्कृताय आपणावची तशेंच गोंयच्या उदरगतीत हातभार लावचो अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केले

**Cm jagannath byte 45**

**सुशांत 50**

पुराय देशभर चालू आशिल्ल्या जगन्नाथ रथयात्रेचो एक वांटो म्हूण मडगांवांय रथयात्रा मिरवणूक जाली. इस्कॉन आनी मडगावच्या हरि मंदिरावतीन आयोजित केल्या मिरवणूकेत एका सजयिल्ल्या रथाचेर श्री जगन्नाथाची म्हूर्त बसोवन पुराय शारात रथाची मिरवणूक काडली. भारतीय जनता पक्षाचे प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नाईक, नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकार, इस्कॉन संस्थेचे संदीप कुंदे, हरिमंदीर देवस्थानचे अध्यक्ष सुहास कामत आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

सुभाष 90

गोवा शालांत मंडळान आपल्या भांगरा महोत्सवी वर्साच्या समारोप सुवाळ्याच्या निमतान उजवाडावपी यादस्तीकी खातीर कविता, कथा, आनी ललित बरपावळीच्या रुपांत आपलें साहित्य मांगला. राज्यांतल्या सरकारी आनी अनुदानीत शाळांतल्या विद्यार्थ्यांनी तशेंच शिक्षकांनी ह्या यादस्तीकी खातीर आपले साहित्य धाडू येता. गोंय शालंत मंडळ ओंदू आपले भांगरा महोत्सवी वर्स मनयता. ह्या महोत्सवाच्या समारोप सुवाळ्याक शिक्षक आनी विद्यार्थ्यांचें मौलिक साहित्य आशिल्लें यादस्तीक पुस्तिका उजवाडायतली. राज्यांतले विद्यार्थी आनी शिक्षक आपलें साहित्य हिंदी, इंग्लीश, कोंकणी, मराठी ह्या चार भाशेंतल्या खंयच्याय भाशेंतल्यान आपले साहित्य १५ जुलय २०२५ मेरेन गोंय शालांत मंडळा कडेन दिवचें अशे गोवा शालांत मंडळाचे अध्यक्ष भागीरथ शेटये हांणी मांगला.

रश्मि 80

आदीवासी कल्याण आनी उदरगतीच्या नदरेतल्यान केंद्र सरकारान चालीक लायीली धरती आभा जन जातीय ग्राम उत्कर्ष येवजण गोंयात 3 जुलैयाक सांगे मतदारसंघात launch करतले अशी म्हायती समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या. ह्या अभियिनाचो उक्तावण सुवाळो सांगे नगरपालीकेच्या सभाघरात केद्रीय आदीवासी कल्याण खात्याचे मंत्री jual ornam तशेंच गोंयचे मुखलमंत्री दोतर प्रमोद सावंत हाजीरेत जातलो. अशी म्हायती मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दीली . ह्या अभीयानावरवी आदीवासी समाजाची उदरगत करपाक केंद्र सरकाराच्या 17 मंत्रालयाच्या जोडपालवान गोय सरकाराची वेग वेगळी खाती काम करतली अशी म्हायती मंत्री फळदेसाय हांणी दीली . **Byte faldesai**

Edc rajesh 30

गोय EDCच्या स्वयंपूर्ण गोवा उपक्रमाखाला आज साखळी नगरपालिका कार्यालयात सकाळी साडे धा वारांचेर एक खाशेली कार्यावळ जातली . हे कार्यावळीक साखळी मतदारसंघाचे आमदार तसेच राज्याचे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हे स्वयंपूर्ण गोवा उपक्रमाखाला उपस्थित नागरीकांक मार्गदर्शन करतले.

वेदर 50

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडात चड तापमान 31 डिग्रीस celcius आनि उण्यांत उणे तापमान 25 डिग्री celcius इतले नोंद जाला फुडल्या ३-४ दिसांत पावस वाडपाची शक्यताय IMDन उक्तायल्या .

खेळ ६०

बहुप्रतीक्षित पांच मॅचींची टी-20 बायलां आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट मालिका आयज नॉटिंघहेमांतल्या ट्रेंट ब्रिज हांगा इंग्लंड आनी भारतामदी सुरू सांजे 7 क सुरू जातली .

MKB 20

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आपल्या म्हयनाल्या मन की बात कार्यावलीत 29 जुनाक देश विदेशातल्या लोका वांगडा आपले विचार माडतले.

आनी इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो ak पणजी केंद्राचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका अयकूक मेलटले सांजे सात वरा वीस मिंटचेर नमस्कार